*गोंय सरकार*

*म्हायती आनी प्रसिध्दी खातें*

*पणजी गोंय*

*सरकारी पत्रक*

**ट्रायथलॉन सर्तीच्या दिसा येरादारीच्या वेवस्थेत तात्पुरतो बदल**

ता. 17 ऑक्टोबर 2019

उत्तर गोंय जिल्होधिकाऱ्यान बेंगळुरच्या योस्का टेक्नोलॉजी सोल्युशन प्रा. ली. ह्या आस्थापनान ता. 20 ऑक्टोबर 2019 दिसा आयोजीत केल्ल्या "IRONMAN 70.3 International Triathlon" ह्या सायक्लिंग, रनिंग आनी पेवपा सर्तीच्या दिसा पणजी शारांतल्या येरादारीत सकाळी 5.00 ते सांजेची 4.00 मेरेन तात्पुरतो बदल करपाचो आदेश दिला आनी ते प्रमाण रायबंदर पाटो ते दिवजां सर्कल आनी दिवजां सर्कल ते मिरामार सर्कल मेरेनची दयानंद बांदोडकर मार्गाची न्हंय वटेनची लेन सकाळी 5.00 ते दनपारां 1.00 मेरेन येरादारीक बंद आसतली.

तशेंच मिरामार सर्कल ते एनआयओ सर्कल मेरेनचो जॅक सिक्वेरा रस्तो, एनआयओ सर्कला सावन दोनापावला-राजभवन रस्त्याची उजव्या हाता वटेनची लेन ते ला मार्वेल कॉलनीची तिसरी लेन मेरेन आनी एनआयओ सर्कला सावन दोनापावला रस्त्याची डाव्या वटेनची लेन आकाशवाणी केंद्र मुख्य गेट, बांबोळी मेरेन सकाळी 5.00 ते सांजेची 4.00 मेरेन येरादारीक बंद आसतली.

मिरामार रेजीडन्सी ते हॉटेल मॅरीयोट मेरेन डी.बी. मार्गाची कार लेन ह्या रस्त्या कुशीक रावपी थळाव्यां लोकां खातीर उकती आसतली. मॅरियोट हॉटेलात वचपाक वाहनांक प्रवेश आसतलो आनी थंयच्यान येवपी वाहनांक मॅग्सन सुपर सेंटर जक्शन, ला कांपाल कॉलनी रस्त्त्यान फुडें वचपाक मेळटले. तशेंच करीमबाद हाऊसिंग सोसायटी ते कला अकादमी जक्शन मेरेन कार लेन उकती आसतली.

तशेंच जॅक सिक्वेरा रस्त्यार पिस हेवन स्कुल जक्शन ते आयवाव जक्शन मेरेन वाठारांतल्या लोकांखातीर कार लेन उकती आसतली.

ओल्ड गोवा – रायबंदर मार्गा वयली येरादारी रायबंदर पाट्या वयल्यान चिंबल जक्शन, मेरशी जक्शन, पणजी शारांत येवपी येरादारी पणजी फेरी धक्क्याकडेन आनी पणजी शाराभायर वचपी येरादारी टोंक जक्शन, सांतिनेज, 18 जून मार्ग, कोर्ती- पाटो पुल मार्गान वळयतले.

डी. बी. मार्गा कुशीक रावपी लोकांक कांपाल परेड मैदानाचेर पार्किंग आसतले. एम्बुलन्स, फायरब्रिगेड अशां आपतकालीन सेवा वाहनांक प्रवेश दितले.

म्हा /सप/ जॉआ/ विगां/ 2019/710

DIRECTORATE OF INFORMATION AND PUBLICITY.

THIRD FLOOR,UDYOG BHAVAN,

NEAR AZAD MAIDAN, PANAJI GOA